**सरकारान सोर्याच्या विक्रीक दिली परवानगी**

पणजी, 3 मे 2020

सरकारान 4 मे 2020 सावन गोंयभरांत सोर्याची विक्री पॅक केल्ल्या बाटल्यांनी विकपाक परवानगी दिल्या. पूण गृह वेव्हार मंत्रालयाची सगळीं संबंदीत मार्गदर्शक तत्वां आनी राज्य कार्यकारिणी समिती, गोंय सरकाराच्या आदेशांचे सक्तीन पालन करचें पडटलें.

प्रतिबंधीत वाठार आनी जांचे परवाने निलंबीत दवरल्यात तांकां सोडून हेर सगळे घावूक आनी किरकोळ विक्रेते 4 मे 2020 सावन सोर्याची विक्री करपाक शकतात. गृह वेव्हार मंत्रालयान दिल्लो आदेश आनी मार्गदर्शक तत्वां प्रमाणें, समाजीक अंतराचें पालन करचें पडटलें तशेंच परवानो धरकान मास्क / योग्य मुखामळ आवरण (फेस मास्क) वापरून सोरो विकूंक जाय आनी मास्क / योग्य मुखामळ आवरण घालूंक नाशिल्ल्या गिरायकाक सोरो विकूंक मेळचो ना.

परवानो धारक आपलो पसरो मान्यताय दिल्ल्या वेळांत उकतो करपाक शकता आनी सांजे 6.00 वरां मेरेन बंद करूंक जाय जाका लागून धनी आनी कर्मचारी सांजे 7.00 वरां मेरेन घरा पावपाक शकतात.

सोरो पॅक केल्ल्या बाटलेंत विकतना गिरायकां मदीं स फूट अंतर आसा आनी रांकेत एका वेळार पांच परस चड लोक ना हाची परवानो धरकान खात्री करपाक जाय.

घावूक विक्रेत्यांनी / किरकोळ विक्रेत्यांनी परवानो दिल्ल्या पसर्याचेर सॅनिटायझराची योग्य अशी तजवीज करपाक जाय तशेंच पुराय पसर्यांत, भौशीक सुविधा आनी दारां, हॅण्डल, कावण्टर सारकिली मनशाच्या संपर्कांत येवपी सगळ्या वस्तूंचे परत परत निर्जंतुकरण जाता हाची परवानो धारकान खात्री करपाक जाय.

सगळ्या कर्मचार्यांनी 'आरोग्य सेतू ऍपाचो' वापर करप सक्तीचे आसा. आदेशांचे उल्लंघन केल्यार गोंय अबकारी कर कायदो आनी नेम 1964 खाला सक्तीन कारवाय जातली.